**Akashvani Panaji**

**National News**

**6.30 PM** **25th Jan 2026**

मतदान हें फकत राजकी अभिव्यक्ती न्हय तर देशांतल्या लोकशाय वेंचणुकेचे प्रक्रियेचेर नागरिकांच्या विस्वासाचें प्रतिबिंब अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज सांगलें. नवी दिल्लींत राष्ट्रीय मतदार दिसा कार्यावळीक मार्गदर्शन करतना तांणी मतदान हें एक माध्यम  जाचे वरवीं नागरिक आपली आकांक्षा उक्तायतात. आयचे मतदारय फुडाराचे शिल्पकार आसात अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें, आनी सगळ्या नागरिकांनी आपलीं घटनात्मक कर्तव्यां मतींत दवरून मतदानाचो हक्क वापरप म्हत्वाचें अशें भर दिलो.तशेंच आंतरराष्ट्रीय लोकशाय आनी वेंचणूक मजत संस्था, आंतरराष्ट्रीय आयडीईएच्या भारताच्या अध्यक्षपदाचेरय तांणी हांणी भर दिलो.BYTE हालींच सोंपिल्ल्या भारत आंतरराष्ट्रीय लोकशाय आनी वेंचणूक वेवस्थापन परिशदेंत जायत्या देशांतल्या 42 वेंचणूक वेवस्थापन संस्थांनी आनी प्रतिनिधींनी वांटो घेतिल्ल्याचीय तांणी  आपल्या मार्गदर्शना  वेळार नोंद केली.अंदूच्या उत्सवाचो विशय ‘माय इंडिया, माय वोट’ आसा . ह्या निमतान तांणी नव्यान नोंदणी केल्ल्या तरणाट्या मतदारांक मतदार फोटो वळखपत्रां भेटयली . तशेंच राष्ट्रपतीं  मुर्मू हाणी तंत्रगिन्यानाचो प्रभावी वापर, वेंचणूक वेवस्थापन आनी रसद, अभिनव मतदार जागृताय, आनी आदर्श आचारसंहितेची अंमलबजावणी  वांगडाच प्रसार माध्यमां खातीर हेर खाशेले पुरस्कार आनी वेगवेगळ्या वर्गांतले उत्कृश्ट वेंचणूक पद्दती पुरस्कार भेटयले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशांतल्या लोकांक, खास करून उद्देग आनी स्टार्टअपां कडेन संबंदीत आशिल्ल्या तरणाट्यांक गुणवत्तेचेर भर दिवपाचो उलो मारला. आयज आकाशवाणीचेर मन की बात कार्यावळींत आपले विचार सांगतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी , भारताची अर्थवेवस्था नेटान फुडें वता आनी पुराय संवसाराची  नदर भारताचेर तिगून उरल्या अशे सांगला .

राष्ट्रीय मतदार दिसा संबंधीत प्रधानमंत्री मोदी हांणी मतदार म्हणल्यार लोकशायेचो जीव. जेन्ना जेन्ना तरणाटो पयलेच खेपे मतदार जाता तेन्ना पुराय शेजार, गांव वा

शारान एकठांय येवन ताका परबीं दिवन खोशी मनोवची अशे तांणी सांगलें.BYTE अशें सांगून फाल्यां पुराय देश सतत्यतर्वो प्रजासत्ताक दीस मनयतलो  अशें प्रधानमंत्री मोदी  हांणी सांगलें. भजन आनी कीर्तन हो भारतीय संस्कृतायेचो जीव शेंकड्यांनी वर्सां जावन आसा. आयच्या तरणाट्यांनी आपल्या अणभवांत आनी जिणे पद्दतींत भक्तीची भावना आस्पावल्या. ह्या विचारांक लागून एक नवो सांस्कृतीक प्रवृत्ती निर्माण जाल्या अशें तांणी मुखार सांगलें. मलेशियांतल्या भारतीय समाजा विशीं उलयतना तांणी  आपल्या संस्कृताय  सांबाळून दवरपाक आनी प्रसार करपाक तोखणायेचें काम करता अशें तांणी  सांगलें. मलेशियांत 500 परस चड तमिळ शाळा आसात आनी तमिळ भास शिकोवपा वांगडाच हेर विशयय तमिळ भाशेंत शिकयतात.BYTE

राष्ट्रीय भलायकी प्राधिकरणान आयआयटी कानपूरांत भलायकी एआय खातीर डिजिटल भौशीक वस्तूंच्या विकासाचेर संघराज्य गुप्तचर हॅकथॉन घडोवन हाडलो.इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिट 2026 च्या आदल्या कार्यावळी खातीर नॅशनल इन्स्टिट्यूट फॉर रिसर्च इन डिजिटल हेल्थ अँड डेटा सायन्स आनी इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी कानपूर हांच्या सहकार्यान ही हॅकथॉन घडोवन हाडल्या.स दिसांची ही कार्यावळ ह्या म्हयन्याच्या 19 तारखेक सुरू जाली. मुखेल मार्गदर्शन  करतना राष्ट्रीय भलायकी प्राधिकरणाचे सीईओ डॉ.सुनील कुमार बार्नवाल हांणी भलायकी जतनाय घेवपा खातीर विस्वासांत घेवपा सारकी, संघटीत एआय पर्यावरण प्रणाली उबारपाच्या रणनिती म्हत्वाचेर भर दिलो.

भारताचे वाडीच्या काणये विशीं हेर देशांची आवड पयलीं परस चड बरी जाल्या अशें केंद्रीय नव आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी आयज सांगलें. दावोसांत जाल्ल्या संवसारीक अर्थीक मंचाच्या फाटबयेर  खाजगी माध्यम चॅनलाक दिल्ले मुलाखतींत मंत्री जोशी हाणी  भारत आतां चड वाड, उणी चलनवाड आनी धोरणांत स्थिरताय आशिल्ल्या जागतीक अर्थवेवस्थेचो मुखेल चालक आसा अशें तांणी सांगलें.

क्रिकेटांत भारत आनी न्यूझीलंड हांचे मदीं तिसरी टी-20 मॅच आयज गुवाहाटीच्या एसीए स्टेडियमाचेर जातली. सांजवेळा 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली.